# एनएसएस स्वयंसेवकांनी गोंय प्लास्टिक मुक्त करपाचे उद्दिश्ट दवरचें-श्री. अशोक कुमार

ता. 9 ऑगस्ट 2018
18 श्रावण 1940

एनएसएस विभागाच्या फाटल्या वर्साच्या कार्यक्रमांचो नियाळ घेवपाक आनी चालू वर्साच्या कार्यक्रमांचे नियोजन करपाखातीर काल सचिवालयाच्या परिशद सभाघरात खेळां सचिव श्री. अशोक जे. कुमार हांच्या अध्यक्षतेखाला गोंय एनएसएस विभागाच्या सल्लागार समितीची बसका जालीं.

खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाचे संचालक श्री.व्ही.एम. प्रभूदेसाय हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्या वांगडयांक येवकार दिवन एनएसएस विभागाच्या कार्यक्रमांची माहिती दिली.

बसकेत उलयताना श्री. अशोक कुमार हांणी गोंय राज्यातल्या एनएसएस स्वयंसेवकांक गोंय प्लास्टिक मुक्त आनी हागणदारी मुक्त करपाचे उद्दिश्ट सामकार दवरून गांव दत्तक घेवन उद्दिश्ट पूर्ण करपाच्या कामाक लागपाक सांगलें. तशेंच शिक्षणिक संस्थांनी आपलो वाठार प्लास्टिक मुक्त करपाक प्लास्टिकाचो वापर करचें नात म्हुण सोपूत घेवपाची सूचोवणीय तांणी केली.

गोंय राज्य डिसेंबर 2018 मेरेन हागणदारी मुक्त जावपाक जाय आनी ते खातीर एनएसएस स्वयंसेवकानी दत्तक घेतिल्या गांवांनी शौचालयाचे म्हत्व, हागणदारीच्या वायट परिणामा बाबतीत जाग्रृती करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

एनएसएस कार्यक्रम अधिका-यांक प्रशिक्षण दिवपाची तशेंच खास शिबिरां आयोजित करपाची गरजय तांणी उक्तायली.

ईटीआय अहमदनगरचे डॉ. अभय शालीग्राम हांणी एनएसएस विभागाच्या माध्यमातल्यान सामाजिक उपक्रम राबोवपाखातीर उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालयांच्या प्रशिक्षित एनएसएस कार्यक्रम अधिका-यांकडल्यान सहकार्य आवश्यक आशिल्ल्याचे सांगलें.

एनएसएस विभागीय केंद्र पुणे-महाराष्ट्राचे प्रतिनिधी श्री. अजय शिंदे हांणी महाराष्ट्र विभागाच्या एनएसएस कार्यक्रमाची माहिती दिली.

गोंय विद्यापिठाचे रजिस्ट्रार प्रो. वाय.डी. रेड्डी, ईटीआय अहमदनगरचे डॉ. शरद भोसले, उच्च माध्यमिक प्राचार्य मंचाचे अध्यक्ष डॉ. एल्विस गोम्स, जिल्हो समन्वयक संजीव शिरोडकर, पालवी म्हायती अधिकारी शांतो नाईक, नेहरू युवा केंद्राचे श्री. कालीदास घाटवळ आनी हेर वांगडी बसकेक हजर आशिल्ले.

शारीरिक शिक्षण विभागाच्यो पालवी संचालक श्रीमती जेनिफर फेर्राव गोन्साल्विस हांणी निमणे उपकार मानले.